<u>**आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्यात सहभागी जावपाक कारांगिरांकडल्यान अर्ज मागयल्यात**</u>

ता. 5 नोव्हेंबर 2021

हस्तकला, टेक्सटाईल आनी कॉयर खात्यान नवी दिल्लीच्या प्रगती मैदानाचेर 14 ते 27 नोव्हेंबर 2021 मेरेन आयोजीत भारतीय आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्यात सहभागी जावपाक इत्सुक आशिल्ल्या गोंय राज्यांतल्या हस्तकला कारागिरांकडल्यान अर्ज मागयल्यात.

भारतीय आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्यात सहभागी जावपाक इत्सुक आशिल्ल्या हस्तकला कारागिरांनी आपले अर्ज हस्तकला उत्पादनांची म्हायती, आपले वळखपत्र, आधार कार्डासयत ता. 8 नोव्हेंबर 2021 मेरेन dhtcgoa@gmail.com ईमेल करचे वा 9421242855 चेर व्हॉटसेप करचे वा श्रीमती रवीनी दावरें, निरिक्षक, हस्तकला, टेक्सटाईल आनी कॉयर विभाग, नेवगी नगर पणजी हांचेकडेन स्वता सुपुर्द करचे.

निवडक हस्तकला कारागिरांनी नवी दिल्लीत गोवा सदन/गोवा निवासात 12 नोव्हेंबर 2021 मेरेन पावपाखातीर स्वता प्रवासाची वेवस्था करपाची आवश्यकता आसा. 12 ते 29 नोव्हेंबर मेरेन तांची रावपाची वेवस्था गोवा सदन/गोवा निवासाच्या डॉरमिटरीन बुक करपात येतली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/923

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji